# राज्य पातळीवयल्या नक्षत्र उत्सवांत वांटो घेवंक कला अकादमीन मागयल्यात अर्ज

पणजी, २७ सप्टेंबर, २०१८

आश्विन ५, १९४०

राज्य पातळीवयल्या नक्षत्र उत्सवांत वांटो घेवपा खातीर शास्त्रीय संगीत- गायन, वाद्य आनी नृत्य क्षेत्रांतल्या १८ ते ३५ वर्सां पिरायेच्या इत्सूक तरणाट्यां कलाकारां कडल्यान कला अकादमी गोंय हांणी साद्या कागदाचेर अर्ज मागयल्यात.

शास्त्रीय गायन, वाद्य (तबला, पेटी, मुरली, सितार) आनी भरतनाट्यम आनी कथक सारकिल्या शास्त्रीय नृत्य सादर करूंक युवा कलाकारांक राज्य पातळीचेर संद दिवपा खातीर कला अकादमीन नक्षत्र उत्सव हो उपक्रम सुरू केला.

सगळ्या इत्सूक युवा कलाकारांनी पूर्ण नांव, संपर्क क्रमांक, संगीत/नाच हातूंत शिक्षण, संगीत गुरू, अणभव आनी हेर संबंदीत म्हायती सयत आपले अर्ज १२ ऑक्टोबर २०१८ दिसा मेरेन वांगडी सचीव, कला अकादमी, कांपाल, पणजी-गोंय ४०३००१ ह्या नाम्याचेर सुपूर्द करचे. गोंयांतल्यो संगीत संस्थाय विद्यार्थ्यांचीं नांवां वयर उल्लेखीत पुराय म्हायती सयत धाडूंक शकतात. कला अकादमीच्या kalaacademygoa@yahoo.co.in ह्या ई-मेल आयडीचेर अर्ज धाडूंक शकतात.

नक्षर उत्सवा खातीर विद्यार्थ्यांची निमाणी चांचणी ऑडिशना वरवीं जातली आनी अर्ज मेळ्ळया उपरांत कला अकादमी गोंय ऑडिशनाची तारीख थारावन अर्जदारांक कळीत करतले.

**मा/वाप/टीएसएस/विगां/स्नेस/फ्रारि/२०१८/१५८८**